# संवसारीक रेबीज दीस जागरूकताय मोहीम

ता. 16 सप्टेंबर 2025

जनावरां सांबाळ आनी पशुवैजकीय सेवा खात्यान संवसारीक रेबीज दीस जागरूकताय अभियाना अंतर्गत मिशन रेबीजच्या सहकार्यान विवीध थळाव्यों संस्था, माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी रॅली, व्याख्यानां, पत्रकां वाटप, रेबीजविशी म्हायती, सुण्यान घास मारल्यार कित्ये करप आनी कित्ये करचे न्हय हे विशीं म्हायती करून दिवपा खातीर संवसारीक रेबीज दीस जागरूकताय अभियान आयोजीत केला.

ही मोहीम दक्षीण गोंयांतल्या साश्ट, सांगे, केपे, आनी मुरगांव ह्या चार तालुक्यांनी 28 सप्टेंबर 2025 सावन सुरू करतले. तशेंच ह्या मोहीमे अंतर्गत स म्हयन्यांच्या काळात सुण्यांचे लसीकरण करतले.

सुण्यान मनशाक घास मारपाच्या घडणूकांनी वाड जायत आसून ह्या फाटभूंयेर फोंडे तालुक्यात सुण्यांचे निर्जंतुकीकरण शिबिराचे आयोजन करतले. ह्या शिबिराचे उक्तावण मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं 29 सप्टेंबर 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर राजीव कला मंदिर हांगा जातले आनी ही मोहीम एक म्हयनो चलतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/752

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.